Panaji regional news 29 nov 2025,7.20pm

जिल्हा पंचायत 190

गोंयांतल्या 50 जिल्हा पंचायत मतदारसंघाखातीर 20 डिसेंबराक मतदान जातलें. वेंचणुकेची आचारसंहीता आयज सावन लागू जाल्या, अशें राज्य वेंचणूक आयुक्त मिनीन डिसोझा हांणी सांगलें.

राज्य वेंचणूक आयुक्त मिनीन डिसोझा हांणी पत्रकार परिशदेत वेंचणुकेचे वेळापत्रक जाहीर केले. 1 ते 9 डिसेंबर मेरेन अर्ज भरपाची मुजत आसतली. 10 डिसेंबराक अर्जाची छाननी जातली. 11 डिसेंबराक अर्ज फाटीं घेवपाची तारीख आसतली आनी त्याच दिसा दनपारां उमेदवारांची वळेरी जाहीर करतले. 20 डिसेंबराक मतदान जातलें आनी 22 डिसेंबराक निकाल जाहीर जातलो.

1 ते 9 डिसेंबर सकाळीं 10 ते दनपारां 1 वरां मजगतीं वेंचणूके खातीर अर्ज भरपाक मेळटले. हो अर्ज भरपाचो काळ सात दिसां खातीर आसतलो. 3 डिसेंबर ही भौशिक सुट्टी आनी 7 डिसेंबर आयतार आशिल्ले कारणान ह्या दिसा अर्ज भरपाक मेळचें ना,अशें डिसोझा हांणी सांगलें.

10 डिसेंबराक सकाळीं 10 ते दनपारां 3 वरां मजगतीं उमेदवारांची चांचपणी जातली.ढ 11 डिसेंबर सकाळीं 10 ते दनपारां 2 वरां मजगतीं उमेदवारांक आपले अर्ज फाटीं घेवपाक मेळटले. त्याच दिसा दनपारां 2 वरां उपरांत रिंगणात आशिल्ले उमेदवारांची वळेरी जाहीर करतले. 20 डिसेंबराक सकाळीं 8 ते सांजे 5 वरां मजगतीं मतदान जातले. 22 डिसेंबराक मतमेजणी जावन निकाल जाहीर जातलो. आचारसंहीतेची कार्यवायेचेर नदर दवरपा खातीर आयोगान घोळटे पंगड आनी स्थिर पाळत पंगडाची वेवस्था केल्या.

## रोमटा मेळ सर्त निकाल 90

इफ्फींतल्या रोमटामेळ सर्तीचो निकाल जाहीर जावन फोंडेंच्या सुयोग शिमगोत्सव मंडळ, आडपय, आगापुर पंगडाक 3 लाखाचे पयलें इनाम फावो जालें. श्री शांतादुर्गा बाब्रेश्वर युवक संघ, कळंगुट हांकां 2.50 लाखाचे दुसरें जाल्यार श्री पाईकदेव शिमगोत्सव समिती, सांगें हांकां 2 लाख रुपयांचें तिसरें इनाम फावो जालें. ही सर्त 21, 25 आनी 26 नोंव्हेंबराक जाल्ली.

अंदूं आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचें उक्तावण वेगळे तरेन जालें. शिगमो आनी कार्निवलाची झलक प्रदर्शीत करुन पोरणें सचिवालय ते मनोरंजन संस्थेच्या इमारती मेरेन चित्ररथ मिरवणूक जाली. कांय पंगडानी गोंयची संस्कृती आनी वेगवेगळया कलेचें सादरीकरण केल्ले. हातूत आयोजकानी इनामा दवरील्ली.

## क्रेडीट सोसायटींक जनऔशधी, गॅस एजन्सी सुरू करपाक मेळटली 140

राज्यात मुळाव्या शेतकरी क्रेडीट सोसायटींचो आंकडो वाडपा सयत तांकां वेवसायीक मळार नवें उपक्रम सुरू करपाक मेळटलें. 2029 मेरेन गोंयच्या दरेक गावांत शेतकरी क्रेडीट सोसायटी जातली. तशेंच जनऔशधी केंद्र, गॅस एजन्सी, पॅत्रोल/डिजेल विक्री अशें वेवसाय करपाची संद तांकां मेळटली. हे उद्दीश्ट साध्य करपा खातीर सहकार खात्यान तरेकवार खात्यांच्या अधिकाऱ्यांची समिती स्थापन केल्या.

हे समितीची अधिसूचोवणी जारी जाल्या. राज्याच्या सगळया पंचायत वाठारांनी उण्यांत उणीं एक तरी शेतकरी सोसायटी वा क्रेडीट सोसायटी आसपाक जाय. तांचो वेवहार वाडपाक जाय, अशें केंद्रीय सहकार मंत्रालयाचे धोरण आसा. ह्या धोरणाची कार्यवाय गोंयांत लेगीत सुरू जातली, अशें सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सहकार सप्तका वेळार स्पश्ट केल्लें.

सहकार सचीवांच्या फुडारपणा खाला समन्वय समिती स्थापन जाल्या. गोरवां पोसपी खात्याचें सचीव, नुस्तेंमारी खात्याचें सचीव, नागरी पुरवण खात्याचें

सचीव, पंचायत सचीव, भलायकी सचीव, वीज सचीव, नाबार्डचे सरवेवस्थापक, पंचायत खात्याचें मुखेली, नागरी पुरवण खात्याचें मुखेली, सहकार भारती अध्यक्ष, गोवा बागायतदार सहकारी संस्थेचे अध्यक्ष समितीचे वांगडी आसा.

70

(एसआयआर)च्या

वेचणूक वेळेरेतल्या खाशेलो सघन सुदारणा (एसआयआर)च्या दुसऱ्या पावन्द्यार 99.53 टक्के मतदारांकं गणना  फॉर्म वांटल्यात अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां. आतां मेरेन 50 कोटी 73 लाखां परस चड मतदारांक गणना फॉर्म वांटल्यात.तशेच वत्त 40 कोटी अर्जचे  डिजिटायझेशन केला अशें आयोगान सांगलें. ह्या म्हयन्याच्या चार तारखेक णव राज्यांनी आनी तीन केंद्रशासीत प्रदेशांनी एस आय आर चो दुसरो टप्पो सुरू जालो. छत्तीसगढ, गोंय, गुजरात, केरळ, मध्य प्रदेश, राजस्थान, तमिळनाडू, उत्तर प्रदेश,

मन की बात’

‘मन की बात’

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले. आकाशवाणीच्या म्हयन्याळया मन की बात’ कार्यावळीचो हो 128 वो भाग आसा . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच AIR न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली

## सुरक्षा दळ

म्मू-काश्मीरांत शिमेचेर सुरक्षा दळ तयार जाले उपरांत 60 वर्सां पुराय जाल्ल्यान आयज पलौरा कॅम्प जम्मू हांगा जाल्ले वर्सुकी पत्रकार परिशदेंत बीएसएफ जम्मू शिमेचे महानिरीक्षक शशंक आनंद हांणी उलोवप केलें. आयजीन शिमो सुरक्षीत दवरपाक आनी आतंकवाद विरोधी कारवाय करपाक बीएसएफान केल्ल्या म्हत्वाच्या योगदानाचेर भर दिलो, पहलगाम हल्लो आनी ऑपरेशन सिंदूर ह्या सारक्या घडणुकां वेळार ताणें केल्ली प्रभावी भुमिका याद केली. वेवसायीकपणान शांतताय, जागृताय, आनी राश्ट्रीय सुरक्षा सांबाळपा खातीर ही दळ कटिबद्ध आसा अशें तांणी सांगलें.

## कृत्रिम बुद्धिमत्ता

100भौशीक भलायकी सुरक्षा घटमूट करपाचे दिकेन व्हड उडी मारून भारत कृत्रिम बुद्धिमत्ता, रियल-टायम डेटा विश्लेशण, डिजिटल बुद्धिमत्ता प्लॅटफॉर्म सारकिल्या अत्याधुनीक तंत्रगिन्यानाचें एकीकरण करून पारंपारीक गुप्तहेर पद्दतींतल्यान अदमास मॉडेलांत आपले रोग पळोवणी पद्दतीचें रुपांतर करपाचें आसा. ह्या प्रतिमानांतल्या बदलाक लागून देशाची प्रकोप वाडचे पयलीं वळखुपाची तांक खूब वाडटली.

एनसीडीसीच्या नॅशनल सेंटर फॉर डिजीज कंट्रोलाच्या म्हणण्या प्रमाण एआय आदारीत इव्हेंट पळोवणी प्रणाली पयलींच एकत्रीत भलायकी म्हायती मंचा खाला वापरतात. आकाशवाणी न्यूज, संचालक एनसीडीसी कडेन उलयतना प्रा रंजन दास हांणी सांगलें की, एआय चालीत पळोवणी आनी तंत्रज्ञान सक्षम रॅपिड रिस्पॉन्स यंत्रणेचें एकीकरण भलायकी सुरक्षा बदलपाचें उतर दिता, वेळार, लक्ष्य केल्ल्या कृती वरवीं हजारांनी लोकांचो जीव वाटावपाची तांक आसा.